नमुनो प्रस्न पत्रिका

कोंकणी- दुसरी भास

यत्ता- बारावी वट्ट प्रस्न- 8 वट्ट गूण- 80 वेळ- 2 ½ वरां

सुचवण्यो- 1. दरेका प्रस्नाची जाप नव्या पानार सुरू करची.

2. प्रस्न आनी उप-प्रस्नांचे आंकडे स्पश्ट बरोवचे.

3. सगले प्रस्न सक्तीचे आसात.

4. उजवे वटेन बरयिल्ले आंकडे प्रस्नाचे वट्ट गूण धरचे.

प्र. 1 सकयल दिल्ल्या खंयच्याय दोन विधानांचें संदर्भासयत स्पश्टीकरण करात. 10

क- झगडयांचें मूळच हुमटून उडयतां. वर्सा वर्साक हें झगडें जातलेंच.

ख- सपनां पळयात. जे सपनां पळेतात तेच तीं साकार करूंक शकतात.

ग- पांच पाकळ्यांचें फूल मेळटा तो भाग्यवंत खंय!

घ- दिसता तशें नासता रे बाबा.

प्र. 2 क- सकयल दिल्ल्या खंयच्याय दोन प्रस्नांच्यो जापो दरेकी 8 ते 10 उतरांनी बरयात. 2

अ- पावसांत खुटयेक हुमकळून दवरिल्ल्या दिव्याक घासप-पुसप केन्ना जातालें?

आ- कुरूकुलाची पुण्याय अशें धृतराष्ट्रान खंयचे घडणुकेक लागून म्हणलें?

इ- शिक्षणाचो विशाल हावेस कितें?

ख- सकयल दिल्ल्या खंयच्याय दोन प्रस्नांच्यो जापो दरेकी 40 ते 45 उतरांनी बरयात. 6

अ- 'कोणे' हें कारवार वाठाराचें मूळचें नांव आयजूय खंय खंय दिसता?

आ- 'सैमाकडेन इश्टागत' ह्या पाठांत जिवीक आनी अजिवीक कोयराविशीं कितें सांगलां?

इ- सत्याग्रहाचे पुर्वतयारेचेर दोतार लोहियांचो भावार्थ कित्याक नाशिल्लो?

ई- आपलें मरण लागीं आसा हें खबर आसून लेगीत दोतोर जिणेविशीं आशावादी कसो आसा?

प्र 3 क- सकयल दिल्ल्या खंयच्याय दोन पद्यांशांचें संदर्भासयत स्पश्टीकरण करात. 8

अ- माजर बसलां हुमरो राखीत
गोठ्यां म्हसरां हांबे हांबे
भुरकटून नाचता लापीट.....

आ- आकुरवंती उफाड धरती
म्हंवरें साळीक आतूर भंवरा.....

इ- आतां फ्लॅटांनी सजल्यां शारां
शेजरा शेजराचीं बंद दारां
भितर व्हाजांत बॉन्साय कॅक्टसां.

ई- पोर्सा मळे कसयतलों
सड्यार फुलां फुलयतलों.

ख- सकयल दिल्ल्या खंयच्याय दोन प्रस्नांच्यो जापो दरेकी 30 ते 35 उतरांनी बरयात. 6

अ- भारतीय संगीत आनी पाश्चात्य संगीत हांच्या सुरमेळांतल्यान कवी कितें सांगूंक सोदता?

आ- आपले मोगिके लागीं लग्न जावपाक सोदपी मोगी तरणाट्याची बंडखोर वृत्ती कवीन कशी उक्तायल्या?

इ- होळये रातीचें वर्णन कवीन खंयच्या उतरांनी केलां?

ई- झाडांचीं मुळां आनी मनशांचीं मुळां हांचें नातें कवीन कशें सुचीत केलां?

प्र 4 क- सकयल दिल्लीं खंयचींय चार वाक्यां कंवसांत सुचयिल्ले प्रमाण बदलून बरयात. 4

अ- जाणटेपणांत आनीक कितें घडटलें. (अर्थ बदलिनासतना न्हयकारी करात)

आ- ही भावना तुमी मुळासकट हुमटून काडशात? (आज्ञार्थी करात)

इ- पेशंट कोण इत्सेन जायना. (प्रश्नार्थी करात)

ई- शिक्षक आदर्श (समाज) निर्मातो. (कंवसांत दिल्ल्या उतराक फावो तो प्रत्यय लायात)

उ- म्हादय न्हंयचे दिपकावणेचे विशिश्ट जागे आसात. (भुतकाळांत करात)

ख- सकयल दिल्ल्या वाक्यांत आडी मारिल्ल्या उतरांच्या जाग्यार कंवसांत दिल्ल्या योग्य त्या वाकप्रचारांचो वापर करून विधानां परतून बरयात 2

अ- शिक्षकान दिल्ल्या आदेशाप्रमाण विद्यार्थ्यान <u>आपलें काम पुराय केलें</u>.

आ- आकांताळ्या हुंवारान साबार घरां <u>नश्ट जालीं</u>.

(सार्थक जावप, मातयेभरवण जावप, गांठ करप, तडीक व्हरप)

ग- सकयल कवंसांत दिल्ल्या क्रियापदांचें फावो तें रूप रित्या सुवातीनीं घालून उतारो पुराय करून बरयात. 2

ह्या वाठारांत आयतारा दिसा कारवारचो सांते बाजार _____. ताच्या कुशीक नुस्त्या बाजारूय _____.

(आसप, भरप, रावप, जावप)

प्र 5 क सकयल दिल्ल्या खंयच्याच तीन उतरांचीं उरफाट्या अर्थाचीं उतरां बरयात. 3

अ- धर्म आ- म्हारग इ- आशा ई- मोटवें

ख- सकयल दिल्ल्या खंयच्याच तीन उतरांचीं विशेशणां करात. 3

अ- सैम आ- सूख इ- पिडा ई- गिन्यान

ग- सकयल दिल्ल्या खंयच्याच तीन उतरांचीं भावनामां करात. 3

अ- जाणटो आ- दोतोर इ- इश्ट ई- उमेद

घ- सकयल दिल्ल्या खंयच्याय तीन ओपारींचे अर्थ बरयात. 3

अ- हार उडटा म्हूण गांयडोळ उडटा.

आ- पानवेलीच्या धर्मान म्हसगाक उदक.

इ- मूय जावन साखर खावप.

ई- हांडीर आसा चेडो, सोदता सगलो वाडो.

उ- वारें येता तशें सूप धरप.

प्र 6 क- 'नितळसाणीचें म्हत्व' ह्या विशयाचेर तुमी तुमच्या इश्ट/ इश्टिणी वांगडा संवाद 10 ते 12 वाक्यांनी बरयात. 5

ख- रोजरी उच्च माध्यमीक विद्यालयांत आयोजीत केल्ल्या 'गोंय मुक्ती दीस' कार्यावळीची आमंत्रण पत्रिका/ आपोवणें तयार करात. 5

प्र 7 क- सकयल दिल्लो उतारो वाचून ताचे सकयल विचारिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो तुमच्या उतरांनी बरयात.

बदलत्या काळांत धर्मीक उत्सवांचें स्वरूप बदलपाचे यत्न चल्ल्यात. चालंत काळांत अशे यत्न समाजीक नदरेन भोव गरजेचे आसात. जण एका धर्माचे लोक एकामेकांचे उत्सव मनयतात. हातूंतल्यान धर्मीक एकचार सादूंक पावता. उत्सव म्हळ्यार निखटो खोशयेचो, मौजमजा करपाचो, खावपा-जेवपाचो दीस न्हय. समाजाक शिकोवपाक, एकजीव करपाक उत्सवांची व्हड गरज आसा. एकामेकांचे उत्सव पळोवप, तांचे फाटलो हेतू, इतिहास तशेंच तांचें म्हत्व, स्वरूप आदी समजून घेवप आनी ते मना पासून मनोवप ही काळाची गरज आसा. हातूंतल्यान एक सुज्ञ समाज घडूंक पावतलो. हेरां विशींचे गैर समज, वायट विचार, कुच्छित्रीपणां ना जावंक पावतलीं.

1. बदलत्या काळांत कितें बदलपाचे यत्न चल्ल्यात? 1
2. धर्मीक एकचार कशे तरेन सादूं येता? 1
3. उत्सवांची व्हड गरज कित्याक आसा? 1
4. एक सुज्ञ समाज कशे तरेन घडूंक पावतलो? 1
5. उता-याक फावोसो माथाळो दियात. 1

ख- तुमी अनीश/ अनिशा सामंत, अमृत प्लाजा, अंबाजी- मडगांव, गोंय अशें समजून सकयल जायरातींत दिल्ल्या पदाखातीर अर्ज बरयात. 5

गरज आसा

कारकून

शिक्षणीक पात्रताय- कला शाखेंत पदवी (बी.ए.)

- संगणकाचें गिन्यान
- कोंकणी भाशेचें गिन्यान

अणभव - उणींच पांच वर्सां

पुराय म्हायतीसयत अर्ज करात

वेवस्थापक

माहीर मार्केटींग कंपनी

काणकोण, गोंय.

प्र 8 सकयल दिल्ल्या खंयच्याय एका विशयाचेर सुमार 250 उतरांनी निबंद बरयात. 8

अ- आयच्या काळांत शिक्षणाचें म्हत्व

आ- पडंग घराची आपजीण

इ- दर्या वेळेर एक वर....

ई- हांव शिक्षक जालों जाल्यार....